आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 22/08/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी अस्तंत बंगालांतल्या कोलकातांत नव्यान बांदिल्ल्या विभाग मेट्रो रेल्वे सेवेक बावटो दाखयलो आनी 5 हजार 200कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या, जायत्या उदरगत प्रकल्पांचे उक्तावण केले. तशेंच ह्या निमतान ताणी मेळाव्यांक संबोधित केले .

ऑपरेशन सिंदूरान भारताच्या संरक्षण धोरणांत नवी दिका दिल्या अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी बिहार भेटेवेळार सांगले.ताणी आयज बिहारात वट् 13 हजार कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केंले आनी काय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर घालो. हातुत वीज, रस्तो, भलायकी, शारी उदरगत आनी उदका पुरवण प्रकल्पांचो आस्पाव आसा. तशेंच गया आनी दिल्ली मदीं अमृत भारत एक्सप्रेस गाडी, आनी वैशाली आनी कोडरमा हांचे मदल्या बौध्द सर्किट गाड्येकय ताणी पाचवो बावटो दाखयलो हाका लागून ह्या वाठारांतल्या मुखेल बौध्द सुवातींनी पर्यटन आनी धर्मीक प्रवासाक चालना मेळटली. प्रधानमंत्री आवास येवजणच्या लावार्थ्यांक चावी दितना ताणी सांगलें( बयतेस 20 सेक )तशेच रोजगार निर्मा नाखातीर मुख्यमंत्री नीतीश कुमार हांणी केल्ल्या यत्नांची तांणी तोखणाय केली.

60

देशांतली सेमीकंडक्टर डिझाइन क्षमता वाडोवपा खातीर सरकारान डिझायन लिंक्ड प्रोत्साहन येवजणे खाला 23 चिप-डिझायन प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या. ह्या प्रकल्पांत पळोवणी कॅमेरे, उर्जा मीटर, मायक्रोप्रोसेसर आयपी आनी नेटवर्किंग अनुप्रयोग अशा मळार देशी चिप्स आनी सिस्टम-ऑन-चिप उपाय तयार करपाक आदार दितात. 72 कंपनींक तांच्या चिप डिझायन प्रकल्पां खातीर उद्देगीक दर्ज्या प्रमाण इलॅक्ट्रॉनीक डिझायन ऑटोमेशन साधनां दिल्यांत अशें इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्रालयान सांगलां.

60/75

सरकारान 'ऑनलायन गेमींग प्रमोशन आनी रेग्युलेशन विधेयक 2025' संमत केल्या उपरांत भारतांतल्या ड्रीम स्पोर्ट्स, गेम्सक्राफ्ट, मोबायल प्रिमियर लीग आनी जुपी ह्या मुखेल मनी गेमींग कंपनींनी आपल्या प्लॅटफॉर्माचेर रियल मनी गेम्स बंद करपाक सुरवात केल्या. कुशळटायेचेर आदारीत आसूं वा संद आदारीत आसूं, जंय खेळगडे अर्थीक परताव्याची अपेक्षा दवरून पयशे गुंतयतात अश्या सगळ्या ऑनलायन

पयशांच्या खेळांचेर ह्या विधेयकांत बंदी घाल्या. तशेच  खंयच्याय जाग्याची तपासणी करपाचो आनी उल्लंघनाच्या दुबावान वॉरंट नासतना खंयच्याय व्यक्तीक अटक करपाचो अधिकार हे विधेयक अधिकार्यांक दिता.

50

केरळांत जावपी थळाव्या संस्थांचे वेंचणुकेंत भाजपाक 25 टक्के सुवाती मेळटल्यो अशें घरमंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. आयज कोच्चींत मल्याळम दिसाळयान आयोजीत केल्ल्या विकास शिखर सभेचें उक्तावण वेळार ताणी सांगले ( बयतेस 21 सेक )  मोदी सरकारान आपत्ती वेवस्थापन करपा खातीर केरलाक 5हजार 100 कोटी रुपया दिल्यात अशें तांणी मुखार सांगलें.

45

भारत लैंगिक समानताय आनी समावेशी फुडारपण वाडोवपा खातीर तशेच  शांततापूर्ण संवसार तयार करपा खातीर वावुरतलो अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलां.तशेच संयुक्त राश्ट्रांच्या शांतताय मोहिमांनी बायलांच्या सहभागाचे आणि एकीकरणाचे समर्थन करता अशें ताणी सांगलां. आयज नवी दिल्लींत संयुक्त राश्ट्रांच्या बायलां लश्करी अधिकाऱ्यां वांगडा उलयताना ताणी सांगलें ( बयतेस 2२ सेक)

40

स्वातंत्र्याची शंबर वर्सां पुराय जावचे पयलीं भारताक विकसीत देश करपाखातीरच्या विकसित भारत 2047 मोहिमेत इसरो योगदान दितलो अशें भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटनेचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हांणी सांगलें.  नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय परिशदेच्या उक्तावण सुवाळयात उलयतना तांणी सांगलें( बयतेस 11 सेक )   .

55

संसदेन वसाहतकाळांतल्या दर्यावेल्या कायद्यांत सुदारणा करून निळया अर्थवेवस्थेक उर्बा दिवपाहेतान पांच मुखेल दर्यावेल्या विधेयकांक मान्यताय दिल्या अशे  केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी  सांगलें . हातून बिल ऑफ लेडींग 2025, कॅरिज ऑफ गुड्स बाय सी बिल 2025, कोस्टल शिपिंग बिल 2025, मर्चंट शिपिंग बिल 2025, आनी इंडियन पोर्ट्स बिल 2025. ह्या विधेयकांचो आस्पाव जाता

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांनी दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, जम्मू-काश्मीर, सिक्किम, मध्य प्रदेश आनी गोंयात  चड पावस पडपाची शक्यताय उक्तायला.तशेच  आयज बिहार

राजस्थान, अस्तंत बंगाल, गुजरात, झारखंड आनी ईशान्य वाठारांतल्या कांय वाठारांनी वादळी पावसाचो अदमास खात्यान उक्तायला

बल्गेरियांत जाल्ल्या U20 संवसारीक कुस्ती सर्तींत भारतान आनीक दोन पदकां जोडलीं रीना आनी प्रिया मलिक हांणी आपापल्या गटात रुप्या पदकां मेळयलीं.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.